राज्यपाला हस्तुकीं गोंय लोकसेवा आयोगाच्या विस्तारीत कार्यालयाचें उक्तावण

ता. 18 एप्रिल 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज पणजेच्या ईडीसी हाऊसात गोंय लोकसेवा आयोग कार्यालयाच्या तिसऱ्या माळ्याचे उक्तावण केले. लोकसेवा आयोग कार्यालयाच्या तिसऱ्या माळ्यार परिक्षा हॉल, सेमिनार हॉल आनी हेर सुविधां आसात.

गोंय लोकसेवा आयोगाच्या विस्तारीत कार्यालयाचे आपल्या हस्तुकीं उक्तावण जाल्ले खातीर समाधान उक्तावन राज्यपालान आमी सगळें लोकांचे सेवक आसून आमी लोकांक न्याय दिवपाखातीर तशेंच गोंय हे देशातले आदर्श राज्य करपा खातीर काम करपाक जाय, अशें म्हणलें.

ह्या वेळार राज्यपालाहस्तुकीं सेवेची 25 वर्सां पुराय केल्ल्या गोंय लोकसेवा आयोगाच्या कर्मचाऱ्यांचो सत्कार केलो.

गोंय लोकसेवा आयोगाचे अध्यक्ष श्री. जुजे मान्युएल नोरोन्हा, गोंय लोकसेवा आयोगाचे वांगडी प्रो. (डॉ) सुखाजी नाईक, सचीव श्री. यतींद्र मराळकर ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातीक सुखाजी नाईक हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी निमाणे यतींद्र मराळकर हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/264

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,

Near Azad Maidan, Panaji